**Panaji national news**

**04.04. 25, 6.30pm**

**बिमस्टेकां**

धानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज बिमस्टेकांत संस्था आनी क्षमता निर्माण करपाचे दिकेन भारताच्या फुडारपणा खाला जायते उपक्रम जाहीर केल्यात. बँकोकांत जाल्ल्या 6व्या बिमस्टेक (बे ऑफ बंगाल इनिशिएटिव्ह फॉर मल्टी-सेक्टरल टेक्निकल अँड इकोनॉमिक कोऑपरेशन) शिखर सभेंत वांटो घेवन श्री मोदी हांणी भारतांत आपत्ती वेवस्थापन, टिकावू दर्या येरादारी, पारंपारीक वैजकी, आनी शेतकी मळार संशोधन आनी प्रशिक्षण हांचेर बिमस्टेक उत्कृश्टताय केंद्रां स्थापन करतले अशें उक्तें केलें. तशेंच तरणाट्यांक कुशळटाय करपा खातीर एक नवो कार्यक्रम जाहीर केलो - बोधी [BIMSTEC for Organized Development of Human Resource Infrastructure] जाचे खाला वेवसायीक, विद्यार्थी, संशोधक, राजनयिक आनी हेरांक प्रशिक्षण आनी शिश्यवृत्ती दितले. तशेंच डिजिटल भौशीक मुळाव्या साधनसुविधां मदल्या प्रादेशिक गरजांचें मुल्यांकन करपा खातीर भारताचो पायलट अभ्यास आनी ह्या वाठारांतल्या कॅन्सराच्या जतनाय घेवपा खातीर क्षमता निर्माण करपाची कार्यावळ तांणी दिली. चड प्रादेशिक अर्थीक एकात्मतेचो उलो मारून प्रधानमंत्र्यान बिमस्टेक चेंबर ऑफ कॉमर्स स्थापन करपाची आनी भारतांत दर वर्सा बिमस्टेक बिझनेस समिट घडोवन हाडपाची पेशकश केली.

**रेल्वे मंत्राल**

केंद्रीय मंत्रीमंडळान रेल्वे मंत्रालयाच्या चार प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या, जाचो वट्ट 18 हजार 658 कोटी रुपया खर्च येतलो. आयज नवी दिल्लींत प्रसार

माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, ह्या प्रकल्पांनी महाराष्ट्र, ओडिशा, आनी छत्तीसगड तीन राज्यांतल्या 15 जिल्ह्यांचो आस्पाव जाता आनी भारतीय रेल्वेच्या सद्याचें जाळें सुमार 1247 किलोमीटर वाडयतले. तांणी सांगलें, ह्या प्रकल्पांत, संबलपूर-जरपाडा तिसरी आनी चवथी लायन, झारसुगुडा-सासोन तिसरी आनी चवथी लायन, खरसिया-नया रायपूर-परमलकासा 5 वी आनी 6 वी लायन आनी गोंडिया-बलहर्शाह डबलिंग हांचो आस्पाव जाता. मंत्री हांणी सांगलें, ह्या मल्टी ट्रॅकिंग प्रस्तावांक लागून कार्यावळी सोंपें जातलें आनी गर्दी उणी जातली, जाका लागून रेल्वेंतल्यान सगळ्यांत चड व्यस्त विभागांचेर खूब गरज आशिल्ली मुळावी बांदावळ उदरगत जातली. तांणी सांगलें, ह्या प्रकल्पां वरवीं 19 नवे स्टेशन बांदतले आनी दोन आकांक्षी जिल्ह्यांक – गडचिरोली आनी राजनांदगांव – जोडणी वाडयतले. तशेंच तेलाची आयात उणी जातली आनी $CO_2$ उत्सर्जन उणें करपाक योगदान दितलें. ताका लागून सुमार 379 लाख मनीस-दिसां खातीर थेट रोजगार मेळटलो अशें श्री वैष्णव हांणी सांगलें.

**नीती**

नीती आयोगान नवी दिल्लींत ‘थळाव्या उदरगत नियोजनांत हवामान अनुकूलन मुखेल प्रवाहात हाडप ’ ह्या विशयाचेर राष्ट्रीय कार्यशाळा घडोवन हाडली. पंचायती उदरगत येवजणेंत हवामान लवचीकता एकठांय करपा खातीर प्रभावी धोरणा सोदपा खातीर धोरण निर्माते, हवामान तज्ञ, नागरी समाज संघटना, आनी उदरगत वेवसायीकांनी कार्यशाळेंत वांटो घेतलो. हवामानाच्या आव्हानांक प्रभावीपणान तोंड दिवपा खातीर ग्राम पंचायतींक साधनां, गिन्यान, आनी संसाधनां सज्ज करपाची गरज आसा हाचेर कार्यशाळेंत भर दिलो.

दिग्गज अभिनेता आनी फिल्म निर्माता मनोज कुमार हांका आयज मरण आयले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ही विशी दुख्ख उक्तायलें. भारतीय सिनेमांतलो एक आदर्श आनी प्रेरणादायी व्यक्ती म्हूण तांणी मनोज कुमाराची तोखणाय केली आनी आपल्या देशभक्तीच्या चित्रपटांक लागून ते खासा याद उरतले अशें म्हणला

**शास्त्रीय अभ्यास**

मनीस-रानवटी जनावरां-पर्यावरण संवादांतल्या प्राणीवितरणाच्या धोक्यांचेर उपाय काडपा खातीर भारत एक आद्य आंतर मंत्रालयीन शास्त्रीय अभ्यास सुरू करतलो. हो खाशेलो अभ्यास सिक्किम, महाराष्ट्र आनी तमिळनाडूंतल्या वेंचून काडिल्ल्या सुकण्यांच्या अभयारण्यांत आनी ओलसाणीच्या वाठारांनी जातलो, तातूंत मनशाची लोकसंख्या आनी स्थलांतरीत सुकण्यांच्या जातींच्या दोनूय भलायकेचेर नियंत्रण दवरपा खातीर वन हेल्थ पद्दतीचो फायदो घेतलो. केंद्रीय भलायकी मंत्रालयान सांगलें, सुकणीं अभयारण्याच्या कामगारांक आनी लागसारच्या रहिवाशांनी प्राणीसंग्रहालयांतल्या कामगारांक आनी लागसारच्या रहिवाशांचे प्राणी रोग सोदून काडपा खातीर आनी निदान करपा खातीर रियल टाईम पळोवणी मॉडेल तयार करपाचो हे व्यापक संशोधन प्रकल्पाचो हेत आसा. मंत्रालयान सांगलें, आयज नवी दिल्लींतल्या इंडियन काउन्सिल ऑफ मेडिकल रिसर्च मुख्यालयांत वेंचून काडिल्ल्या सुकण्यांच्या अभयारण्यां आनी ओलसाणीच्या वाठारांनी अभ्यास सुरू केला.

**सुकणीं**

पुडुचेरी रान खात्यान हालींच्या काळांत सुकण्यांचे जनगणनेंत एकाच दिसा ८६ जातींतल्या २,३४३ सुकण्यांची नोंद जाल्या. मार्च म्हयन्यांत औस्टेरी तळें, बाहौर

तळें, आनी अरियांकुप्पम-अलैयती रान वाठारांत सर्वेक्षण केल्लें.सुकणीं संशोधक भूपेश गुप्ता हाच्या फुडारपणाखाल जाल्ले जनगणनेंत कॉलेजींतल्या विद्यार्थ्यांचो आस्पाव आशिल्लो आनी स्थलांतर पद्दतींचो आनी संवर्धन गरजेचो अभ्यास करपाचो हेतू आशिल्लो. अहवाल जाहीर करपी रान अधिकारी अरुलकुमार आयएफएस हांणी सांगलें, सुकण्यांची उपस्थिती नुस्त्याची लोकसंख्या सांबाळपाक मदत करता आनी उदक आनी मातयेचो दर्जो दोनूय सुदारता.